गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी-गोंय

पत्रक

**<u>जून म्हयन्यात राज्यातल्या रस्त्यांचेर जाल्ले अपघात</u>**

ता.2 ऑगस्ट 2019

11 श्रावण 1941

येरादारी खात्यान फाटल्या जून म्हयन्यात राज्यातल्या रस्त्यांचेर जाल्ल्या अपघातांचो आकडो आनी येरादारीचे नेम मोडपी वाहनचालकांक दिल्ल्या चलनाचो आकडो जाहिर केला. जून म्हयन्यात उत्तर गोंयात 13 आनी दक्षिण गोंयात 11 मिळून 24 जीवघेणे अपघात जाले. तशेंच राज्यात 9 गंभीर, 53 सादे आनी 182 दुखापत जावक नाशिल्ले अपघात जाले.

रस्त्यावयल्या प्राणघातक अपघातांनी उत्तर गोंयात 17 आनी दक्षिण गोंयात 12 मिळून 29 जाणांक मरण आयले. जीव गेल्ल्यामदी 15 रायडर, 4 पिलीयन रायडर, 1 ड्रायव्हर, 2 प्रवासी आनी 7 चलून वचपी व्यक्तीचो आसपाव आसा.

अपघातांनी 12 लोकांक गंभीर मार लागलो जाल्यार 75 लोकांक सादो मार लागलो.

येरादारी पुलीसांनी रस्त्यावयले नेम मोडपी 6227 वाहन चालकांक चलन दिले.

मा/वाप/एमएस/जॉआ/विगां/प्रधु/2019/417